Panaji Regional 26th July 2026 7.25am

Mann Ki Baat –
प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आज सकाळीं 11 वरांचेर आकाशवाणी वेल्या ‘मन की बात’ कार्यावळीं वरवीं देश विदेशांतल्या लोकां कडेन संवाद सादतले. हो ह्या म्हयन्याळ्या रेडिओ कार्यावळीचो 136वो भाग आसतलो. आकाशवाणी आनी दूरदर्शनाच्या पुराय नेटवर्काचेर, AIR News वेबसायटीचेर आनी Newsonair मोबायल ॲपाचेर हो कार्यक्रम प्रसारीत जातलो. तशेंच AIR News, डीडी न्यूज, पीएमओ आनी म्हायती आनी प्रसारण मंत्रालयाच्या युट्युब चॅनलांचेर ताचे थेट प्रसारण जातले. हिंदी प्रसारणा उपरांत रोखडेंच आकाशवाणी प्रादेशिक भाशांनी ही कार्यावळ प्रसारीत करतली.
Joshi Edu –
धर्मेंद्र प्रधान हांच्या राजीनाम्या उपरांत केंद्रीय मंत्री प्रल्हाद जोशी हे नवे शिक्षण मंत्री आसतले. जोशी हांकां तांच्या सध्याच्या खात्यां व्यतिरिक्त शिक्षण मंत्रालयाचो कार्यभार दिला. जोशी सद्या गिरायक वेव्हार, अन्न आनी भौशीक वितरण आनी नवी आनी नवीनीकरणीय ऊर्जा मंत्री म्हणून काम पळयतात. राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी धर्मेंद्र प्रधानाचो केंद्रीय मंत्रीमंडळातलो राजिनामो तात्काळ प्रभावान स्वीकारला.
CM –
धर्मेंद्र प्रधान हांणी केंद्रीय शिक्षण मंत्री पद सोडपाचो घेतिल्लो निर्णय तांच्या 4 दसकांच्या भोवशीक जिणेंत ताणीं जपिल्ली जापसालदारेची भावना दाखोवन दिता. राष्ट्रीय शिक्षण धोरणांतलें तांचें योगदान सदांच याद उरतलें, अशे मुखेलमंत्री डाॅ. प्रमोद सावंत हांणी राजीनाम्या उपरान म्हणला.
Parliament Bill –
सरकार फाल्या लोकसभेंत भौशीक परिक्षा (अयोग्य साधनां प्रतिबंध) दुरुस्ती विधेयक, 2026 मांडटलें. सोमारा खातीरच्या सभाघराच्या कामकाजाच्या वळेरेंत ह्या विधेयकाचो आस्पाव आसा. भौशीक परिक्षा (अनुचित साधनां प्रतिबंध) कायदो, 2024 हातूंत दुरुस्ती करपाचो ह्या विधेयकाचो हेतू आसा. केंद्रीय मंत्री डॉ. जितेन्द्र सिंह हें विधेयक मांडटले.
CM –
मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत आज सांजे चार वरांचेर मोरमुगांव वास्कोत 20 खाटींच्या मुळाव्या भलायकी केंद्राचो बुन्यादि फातर बसयतले. हो प्रकल्प गोंय राज्य मुळावी बांदावळ उदरगत म्हामंडळ म्हल्यार जीएसआयडीसी न हातांत घेतला. ह्या कार्यावळीक भलायकी मंत्री विश्वजीत राणे, राज्यसभा खासदार सदानंद शेत तानावडे, जीएसआयडीसीचे अध्यक्ष मायकल लोबो आनी हेर मानेस्त हाजीर आसतले.

ह्या प्रकल्पाचो खर्च सुमार २६ कोटी इतलो आसा. ह्या भलायकी केंद्रची इमारत चार माळयेची आसतली आनी तातूंत गरजेच्यो सगळ्यो वैजकी सुविधा उपलब्ध आसतल्यो. प्रस्तावीत भलायकी केंद्रांत सामान्य वैजकी, दंतचिकित्सा, आयुश, ईएनटी नेत्रविज्ञान, आर्थोपेडिक्स, बालरोगविज्ञान आनी स्त्रीरोग आनी प्रसूती शास्त्र ह्या विभागां खातीर बाह्यरुग्ण विभाग (ओपीडी) आसतलो.

Ekadashi –

गोंयचे पंढरपूर म्हुण फामाद आशिल्या विठ्ठलापुर साखळीतल्या श्री विठ्ठल देवळांत काल आषाढी एकादशीच्या निमतान वेग वेगळ्यो धार्मिक आनी सांस्कृतिक कार्यावळी जाल्यो. काल सकाळी सात वरांसावन आषाढी एकादशी निमतान श्री विठ्ठल मंदिरात राजकीय आनी सामाजिक मळावयल्या मानेस्तानी देवळात येवन अभिशेक करून श्री विठ्ठल देवाचे आशीर्वाद घेतले. मुख्यमंत्री डॉक्टर प्रमोद सावंत, भलायकी मंत्री विश्वजीत राणे, मये मतदार संघाचे आमदार प्रेमेंद्र शेट, भाजपचे प्रदेशाध्यक्ष दामू नायक तशेच हेर भाविकांनी श्री विठ्ठलाचेर अभिषेक करून आशीर्वाद घेतले.

इतले मजगतीं आषाढी एकादशीच्या निमतान दिवचल म्हालांत सांखळी,दिवचल, मुळगाव, मये,आनी हेर सुवातानी सांस्कृतिक कार्यवळीं जाल्यो.

IFFI –

20 ते 28 नोव्हेंबर, 2026 ह्या काळांत गोंयात जावपी 57 व्या भारतीय आंतरराश्ट्रीय चित्रपट महोत्सवा खातीर राष्ट्रीय चित्रपट विकास म्हामंडळान अधिकृतपणान प्रवेशिका स्वीकारपाक सुरवात केल्या. महोत्सवाचो दिग्दर्शक आशुतोष गोवारीकराच्या फुडारपणा खालच्या आशियांतल्या सगळ्यांत पोरण्या चित्रपट महोत्सवांत मुखेल भारतीय पॅनोरमा विभाग आसतलो, तातूंत 25 फिचर आनी 20 बिगर फिचर चित्रपट, तशेंच पदार्पण करपी दिग्दर्शकांक आनी डिजिटल वेब मालिकांक पुरस्कार दितले. ICFT-UNESCO गांधी पदकासयत आंतरराश्ट्रीय सर्ती खातीरय संवसारीक प्रवेशिका उक्त्यो आसात. भारतीय श्रेणीं खातीर प्रवेशिका सादर करपाची मुदत ऑगस्टाच्या मध्याक सोपता, जाल्यार फिल्मफ्रीवे वरवीं आंतरराष्ट्रीय प्रवेशिका सादर करपाची निमणी तारीख ३१ ऑगस्ट २०२६ आसा.

IMD –

हवामान खात्या प्रमाण गोंयांत 26 ते 28 जुलयाक मध्यम ते उटंगार पावसाची शक्यताय आसा. ह्या काळांत वादळी वाऱ्या सयत नेटाच्या पावसाची शक्यताय उक्तावन हवामान खात्यान yellow alert जारी केला.

T20 –

दादल्यांच्या क्रिकेटांत, हरारे हांगा काल जाल्ल्या तीन मॅचींच्या मालिकेच्या दुसऱ्या टी-20 आंतरराश्ट्रीय मॅचीत भारतान यजमान झिम्बाब्वेचो 90 धांवड्यांनी पराभव केलो. ह्या जैताक लागून भारतीय पंगडांन मालिकेत २-० अशी निर्णायक  आघाडी घेतल्या. तशेंच नवो टी-२० कर्णधार श्रेयस अय्यरच्या फुडारपणाखाल ही पयली मालिका जिखल्या.